Panaji Regional 6th June 2025 7.25 am

गोयाची सासशट टक्के green coverage सांबांळुन शाश्वत उदरगत करपाक सरकार महत्व दीता अशे

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते गोय जैवविविधताय मंळान आयोजीत केल्ल्या

पर्यावरण दीसाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. एकल वापर प्लॅस्टिकाचेर ह्याफुडे

गोयांत कडक/साणीन बंदी घालतले अशे मुखेलमंत्र्यानी  ह्या वेळार म्हणला. ह्या कार्यावळी वेळार

गोंय जैवविविधताय म्हामंडळान तयार केल्लो खाजन जमनीच्या पुर्न जीवना खातीरचो वेवस्थापन

आराखडो तशेंच जैवविविधताय म्हामंडळाचो वर्सुकी पर्यावरण अहवाल मुखेलमंत्र्यानी  प्रकाशीत केलो.

उद्देजकांनी कोयर वेवस्थापन आनी उदकाचेर प्रक्रीया करून ताचो पुर्नवापर करचे अशेय आवाहन

ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला.जाल्यार गोयच्या दर्यादेगाची झिज जांवन जमीन आणि मातयेची धूप,

जियेपाचो प्रस्न आनी खारफुटीची सांभाळ करपाच्या नदरेतल्यान सरकार खासा आराखडो तयार करतले

अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या. गोंय पाचवेचार आनी नितळ दवरप ही फकत सरकाराची

न्ही जाल्यार जण एका गोंयकाराची जवाबदारी,घर नितळ दवरून घरातलो कोयर रस्त्यार उडोवप समा

न्ही,तशेंत पर्यावरण दीसाच झाडा रोवप ही मानसिकता लेगीत चुकीची.पर्यावरण पाचवेचार दवरपाक

मनशान कायम वावुरपाक जाय अशे ह्यावेळार राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी

म्हणला. कार्यावळीचे मानाचे सोयरे पर्यावरण मोगी प्रकाश आमटे हांणी ह्यावेळार

पर्यावरण सामाळपाक वावुरपी बिगर सरकारी संघटनांनी पर्यावरणाच्या नावान दुसऱ्या खंयच्या हेर

हेतान काम करप चुकीचे अशे म्हणला. संसारीक पांवड्याचेर प्लॅस्टिक प्रदूशणाचो प्रस्न सुटावो करप

ह्या संकल्पनेचेर अंदुचो सांसारिक पर्यावरण दीस मनयता. हेच फांटभुयर आयोजीत केल्ली पर्यावरण

दीसाची कार्यावळ पणजे दोनापिवला राज भवनाच्या दरबार सभाघरात आयज जाली.ह्या कार्यावळीक

मंदाकीनी आमटे,गोंय राज्याचे मुखेल सचीव वी.कानदीवेलु, पर्यावरण खात्याचे सचीव अरूण कुमार,गोंय

जैवविविधताय म्हामंडळाचे संचालक सचीन देसाय तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

पारंपारीक वैजकी आनी भलायकीची जतनाय घेवपाचें जागतीक केंद्र म्हूण भारताक स्थापन करपा खातीर भारत सरकारान नवी दिल्लींतल्या वाणीज्य भवनांत जाल्ल्या आयुष भागधारक / उद्वेग संवादांत 'आयुष निवेश सारथी' पोर्टल सुरू केलें. आयुष मंत्रालयाक राज्य (स्वतंत्र प्रभार) प्रतापराव जाधव, आयुश मंत्रालयाचे सचीव वैद्य राजेश कोटेचा आनी dpitचे सचीव अमरदीप सिंग भाटिया सयत वरिश्ठ सरकारी अधिकारी, उद्वेग फुडारी आनी जागतीक भागधारक एकठांय आयले. आयुष निवेश सारथी हे आयुश मंत्रालयान इन्व्हेस्ट

इंडियाच्या सहकार्यान तयार केल्लें समर्पीत, गुंतवणूकदार केंद्रीत डिजिटल प्लॅटफॉर्म आसा. धोरण चौकट, प्रोत्साहन संरचना, गुंतवणूक तयार प्रकल्प आनी रियल-टायम सुविधा एकाच संवादांतल्यान एकठांय हाडटा. देशी आनी जागतीक गुंतवणूकदारांक आदार दिवपा खातीर तयार केल्लो हो प्लॅटफॉर्म. आयुष निवेश सारथी सुरू करप हो संवसाराक संकेत आसा की भारत समग्र भलायकी जतनायांत गुंतवणूक, सहकार आनी नवनिर्माणा खातीर उक्तो आसा.

लोकांनी आपलयो गरजो उण्यो केल्यार पर्यावरणाची समस्या आपोआप सुटावी जातली अशें मॅगसेसे पुरस्कार विजेते डॉ. प्रकाश आमटे हांणी सांगले. संवसारीक पर्यावरण दिसाच्या राज्य पांवड्यावेल्या सुवाळ्यांत डॉ प्रकाश आमटे आनी डॉ. मंदाकिनी आमटे हांचे कडेन जाल्ले मुलाखती वेळार ते उलयताले. संवसारीक पर्यावरण दिसाचें मुखेल कार्यावळ राजभवनाच्या दरबार हॉलांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हाजिरेंत जाली. महाराष्ट्रांतल्या गडचिरोलीच्या हेमल/कसा गांवांतल्या माडिया गोंड जमाती मदीं काम करतना जायतीं आव्हानां आशिल्लीं, पूण जंय इत्सा आसा थंय येस मेळटा अशें डॉ. आमटे हांणी सांगून गोंयच्या लोकांक एक संदेश दिलो. सुभाष जाण हांणी ही मुलाखत घेतली.

राज्यांत फुडल्या तीन महयन्यांच्या काळांत वेगवेगळ्या सुवातीचेर सुमार पांच लाख झाडांची लागवड

करतले. तशेंच पालिका वाठारांत सुवात उपलब्ध आसल्यार झाडां रोयतले आनी तांची जतना जीसुडा

घेतली. तशेंच २५० एफ एस आय परस चड उंच इमारतींक व्हर्टिकल फॉरेस्ट केले बगर कसलेच तरेची

मंजुरी मेळची ना, अशी म्हायती रानां मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. मडगांवच्या सोनसडो कोयराच्या

यार्डाचे सुवातेर उण्या वाठारांत दाट रान उबारपाचो उपक्रम सुरु केला. हाची सुरवात नगरनियोजन मंत्री

विश्वजीत राणे हांचे सयत आमदार दिगंबर कामत, नगराध्यक्ष दामू शिरोडकार आनी नगरसेवकांचे

हाजेरींत जाली. गोंय हें ल्हान राज्य जरी आसलें तरी फुडल्या तीन म्हयन्यांच्या काळांत राज्यभर

सुमार पांच लाख झाडांची लागवड करतले. हीं झाडां खंय लायलीं हाची म्हायती मेळटली. तशेंच

पालिका वाठारांत जंय सुवात आसा, थंय पालिका मंडळाक वांगडा घेवन झाडां रोयतले. जीसुडा वरवीं

तांचो सांबाळ करतले. पालिकांचेर कसलेच तरेचें वजें पडचें ना, अशेंय सांगलें. हाची अधिसुचवणी

फुडल्या बिरेस्तार मेरेन येतली. तशेंच ह्यां उंच इमारतींचो रंग हो धवो आसपाची गरज आसा. तशेंच

इमारतींची उंचाय, पार्किंगची वेवस्था आनी हेर सुविधा हे खातीर आनीक कांय निर्णय घेतले. सात ते

आठ माळयेच्या इमारतींक हाचो फायदो जातलो, अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें.

दाट रानाच्या पयल्या प्रकल्पा खातीर नगरनियोजन आनी रान खात्यान सोनसडो यार्डाची निवड

केल्या. हें पुराय जाले उपरांत हाचे फाटल्यान आशिल्लो कोयरूय दिसचो ना. मडगाव सावन ह्या

प्रकल्पाची सुरुवात जाल्ल्यान शारी वाठारांत अशे तरेचीं दाट रानां उबारपाची संकल्पना अस्तित्वांत

येतली. हाका सगल्यांनी सहकार्य करपाची गरज आमदार दिगंबर कामत हांणी उक्तायली.